Akashwani panaji regional news 7.25 am 13th may 2026

Rashmi

आंतरराश्ट्रीय नर्स दिसाच्या फांटभुयेंर गोंयची रक्षा पर्वतकार हीका बरी कामगिरी केल्ले खातीर राश्ट्रपती द्रोपदी मुर्मु हांच्य हस्तुकी National Florence Nightingale Award 2026 फावो जाला.राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी मंगळारा आंतरराष्ट्रीय नर्सी दिसा निमतान राष्ट्रपती भवनांत जाल्ल्या सुवाळ्यांत नामनेच्या नर्सिंग कर्मचाऱ्यांक राष्ट्रीय फ्लॉरेन्स नाईटिंगेल पुरस्कार 2026 भेटयले. तांतुन गोंयची रक्षा पर्वतकार हीचो आसपाव आसा. प्रमाणपत्र, पदक आनी भलायकी सेवांनी केल्ल्या अपवादात्मक योगदानाची वळख करून दिवपा खातीर एक लाख रुपया रोख इनाम अशे ह्या पुरस्काराचे स्वरुप आसा.रक्षा पर्वतकार हिणे गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय हॉस्पिटलात वोर्ड इनचार्ड वोर्ड सिस्टर म्हण काम केला. तीणे नर्स ह्या पेशात ३९ वर्सा सेवा दिल्या.ह्या कार्यावळीत उलोवाप करतना राश्ट्रपती द्रोपदी मुर्मु हीणे नर्सी आनी भलायकी वेवसायिकांची करुणा, समर्पण आनी राष्ट्राची सेवा केल्या खातीर तोखणाय केली. नर्सिंग कर्मचारी सेवा उंचेल्या दर्ज्याचें उदाहरण दितात आनी चड करून आव्हानात्मक परिस्थितींत दर्जेदार भलायकी सेवा दिवपाक म्हत्वाची भुमिका करतात अशें तानी स्पष्ट केले

Sir

उत्तर गोंय जिल्हो गिरायक संरक्षण मंडळाची बसका उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी केंद्रांत अतिरिक्त जिल्होधिकारी प्रवीण परब हांच्या अध्यक्षतेखाला जाली. हे बसकेंत वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांचे अधिकारी, भागधारक आनी गिरायक मंचाचे प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले. नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हाराचे उपसंचालक अमित सावंत हे बसकेचे वांगडी सचीव म्हूण वावुरले.उत्तर गोंय जिल्ह्यांत गिरायक हक्क घटमूट करप, तक्रार निवारण यंत्रणा आनी गिरायक जागृताय कार्यावळी संबंदीत साबार म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर बसकेंत भर दिलो. वेगवेगळ्या खात्यां मदीं समन्वय सुदारपा खातीर आनी जिल्लो पांवड्यार गिरायक संरक्षण धोरणांची प्रभावी

अंमलबजावणी करपा खातीर उपायांचेर चर्चा जाली.विद्याथ्यांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर शाळा इमारतींनी उजो पालोवपाची सुरक्षेची प्रमाणपत्र वेळार जारी करप आनी उजो पालोवपाच्या सुरक्षेच्या नेमांक पाळो दिवप हो बसकेंत चर्चा जाल्लो एक मुखेल प्रस्न आशिल्लो.

रश्मी

गोंयांत पेट्रोलाचो उणाव ना अशें गोवा पेट्रोल डिलर्स असोसिएशन संघटनेन काल पत्रकार परीशद घेंवन स्पश्ट केला.गोयांत इंधनाचो मुबलक साठो आसा अशी म्हायती ह्यावेळार संघटनेचे अध्यक्ष नरहर ठाकुर हांणी दीला. गोंयात दर सप्तकांत नेमान पेट्रोल टँकर येवपाक लागल्यात. पेट्रोलाच्या दरांत उतार-चढाव हे वीशी कांय आदेश येंवक ना अशे तांणी म्हळा. नेपाळ, पाकिस्तान, श्रीलंका, बांगलादेश अशा शेजारच्या देशांक पळयल्यार तांकां उणाव आनी दर वाड जाल्या. ताचे तुळेन गोंयची परिस्थिती खूब बरी आसा अशे गोंय पेट्रोल विक्रेत्या संघटणेच्या जाळवणदारांनी पत्रकार परीशदेत स्पश्ट केला.

सर

बायलां उद्देजकता मंचाचो राज्य अध्याय गोंयांत 14 मे 2026 दिसा, लोकभवनांतल्या जुआरी हॉलांत, डोना पौला हांगा सुरू जातलो. गोवा राज्य ग्रामीण उदरनिर्वाह मिशन , ग्रामीण उदरगत विभाग, गोंय सरकारान हो उपक्रम घडोवन हाडला. राज्यभरांतल्या बायलांच्या फुडारपणा खाला उद्देग वाड घटमूट करपाचो हेतू आसा.नीती आयोगाचो उपक्रम आशिल्ली बायलां उद्देजकता माची आकांक्षी आनी स्थापन जाल्ल्या उद्देजकांक आदार दिवपा खातीर तयार केला. गोवा चॅप्टरांत स्टार्टअप, आप मजत गट, नवनिर्माण करपी, आनी वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या संस्थापकांक प्रोत्साहन मेळटलें अशी अपेक्षा आसा. ह्या कार्यावळींत डब्ल्यूईपी गोवा चॅप्टराचें अनावरण आनी स म्हयन्यांचो रस्तो नकासो उझ्वादाव्पचो आसा. उद्देजकता, हस्तकला, उद्देग विस्तार, आनी कुशळटाय वाडोवपा कडेन संबंदीत आशिल्ल्या सहकार्याच्या उपक्रमांचीय कार्यावळयो जात्ल्यो.

प्रसाद

कामगिरी आनी अभिनव संकल्पनांचेर आदारिल्लीं शिबिरां घडोवन हाडून आनी आपणे तयार केल्लीं उत्पादनां हेर राज्यांनी आनी शेजारच्या देशांनी व्हरपाचो यत्न करून आप मजत गट समृध्द करपाक जाय अशें सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सांगलें.हेर राज्यांनी गोंयांतल्यान वेगवेगळ्या प्रकारच्या बऱ्या उत्पादनांची आनी वस्तूंची मागणी वाडत आसा. तशेंच तें मतींत दवरून आनी बाजारांत सर्वेक्षण करून मागणी आशिल्लीं उत्पादनां तयार करपाचेर भर दिवचो तशेंच तुळा करची न्हय आनी हेरां कडल्यान शिकचें आनी स्वताचीं उत्पादनां तयार करपाचेर लक्ष केंद्रीत करचें अशें तांणी सांगलें.

कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी 'वृत्तनिवेदकाच्या' पदाखाती करारा चेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. पिराय 21 ते 50 वर्सां पदवीधर , इंग्लीश ते कोकणी आणि कोकणी ते इंग्लीश अणकार करपाचे आणि कोकणी भाषेचे गिन्यान तशेच प्रसारणाक योग्य आवाज आस्पाक जाय
अर्ज करपाक निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा

हवामान

हवामान खात्याच्या अदमासा प्रमाण 18 मे मरेन गोंयांत उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती चालूच उरपाची शक्यताय आसा.

Sports

आयपीएल क्रिकेटांत आयज रायपूरांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी कोलकाता नाइट रायडर्स ह्या पागडा मदीं सांजवेळा 07:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.